# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गुढी पाडव्याची परबीं

ता. 18 मार्च 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गुढी पाडव्याच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक काळजासावन परबीं भेटयल्या. पारंपरीक नव्या वर्साची सुरवात आशिल्लो हो सण सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय, समृध्दी आनी बरी भलायकी घेवन येव, अशें मुख्यमंत्र्यान मागला.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, हिंदु दिनदर्शिकेप्रमाण नवीन वर्साची सुरुवात म्हुण चैत्र म्हयन्याच्या पयल्या दिसा गुढी पाडवो सण मनयतात. ह्या सणाक सांस्कृतीक म्हत्व आसा आनी आमची सांस्कृतीक परंपरा सांबाळून दवरपाक मजत करता. हो सण वेगवेगळ्या राज्यांनी आनी प्रदेशांनी वेगवेगळ्या रितीरिवाजांनी साजरो करतात.

गुढी पाडव्याच्या सणातल्यान समाजात सलोखो आनी आपलेपणाची भावना वाडिक लागता. मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक शांतीकाय आनी सामाजीक सलोखो राखून स्वयंपूर्ण गोंय आनी विकसीत भारताचे उद्दिश्ट पुर्ण करपाक योगदान दिवपाचो उलो मारला.

गुढी पाडव्याचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, भरभराट आनी समृध्दी घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/194

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.